# <u>कामगांर कल्याण मंडळावतीन कामगांर नोंदणी मोहिम</u>

ता. 21 ऑक्टोबर2019

बांदकाम क्षेत्रातल्या कामगारांची नोंदणी करून तांका वेगवेगळ्यां येवजणांचो लाव मेळोवन दिवपा खातीर गोंय इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळान कामगार आनी रोजगार खात्याच्या कार्यालयाच्या सहकार्यान बांदकाम क्षेत्रातल्या कामगारांची टप्प्या-टप्प्यान नोंदणी करपाची मोहिम सुरू केल्या.

राज्यांत पंचायत, नगरपालिका आनी बांदकामांच्या थळार केल्ल्या सर्वेक्षणातल्यान आता मेरेन धा हजार कामगारांची नोंदणी केल्या. तशेंच कामगारांक सुरक्षा आनी कुशळताय तंत्राचे प्रशिक्षण दिवपा खातीर वेगवेगळ्यां पंचायतीनी कुशळताय विकास प्रशिक्षण आयोजीत करपात येता. कामगारांक मंडळा वतीन समाज कल्याण, भलायकी, शिक्षण आनी हेर मदती खातीर 17 कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. ह्या येवजणांच्या लावधारकांक दिवपात येवपी आर्थिक मदत वाडोवपात आयल्या.

कामगांर आनी रोजगारमंत्री श्रीमती जेनिफर मोंसेरात ह्यो मंडळाच्यो अध्यक्ष आसून हांलीच ताळगांवच्या कम्युनिटी सेंटरात मंडळान आयोजीत केल्ल्या कामगांर मार्गदर्शन आनी नोंदणी मोहिमेक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/715